Aakashvani Panaji National Bulletin 8.40 am 8th November 2025

स्वातंत्र्य चळवळीक उर्बा दिवपी वंदे मातरम ह्या गीताचे सार्दशती उत्सवाक आयजसावन देशभरात सुरूवात जाली . बकीम चंद्र चॅटर्जी हांणी १५० वर्सांपयली हें गीत बरयल्लें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींत 'वंदे मातरम' च्या सार्दशती सुवाळ्याचें उक्तावण केलें. 'वंदे मातरम' हो एक मंत्र, एक उर्जा, एक सपन आनी एक संकल्प आसा अशें ताणी सांगलें. (bytes sec)

ह्या निमतान ताणी एक यादस्तीक टपाल तिकीट आनी नाणें जारी केले. तशेंच 'vandemataram150.in' हें खाशेलें पोर्टल चालिक लायलें.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी भारत माताचे समृध्दी खातीर वावुरपाचो संकल्प सगल्या नागरिकांनी करचो अशे आवाहन केले. मजगती गोयचे मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी तरणाट्यांनी 'वंदे मातरम' ह्या देशभक्ती गीतांतल्यान प्रेरणा घेवची अशें आवाहन केलें .

Pm Varanasi

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तर प्रदेशांतल्या वाराणसींत चार नव्या वंदे भारत एक्सप्रेस गाडयांक बावतो दाखयतले . नवी वंदे भारत एक्सप्रेस गाडयो बनारस-खजुराहो, लखनौ-सहारनपूर, फिरोजपूर-दिल्ली, आनी एर्नाकुलम-बेंगळुरू मार्गांचेर चलतली. ह्या गाडयांनी प्रवास वेळ उणो जातलो, आनी प्रादेशिक हालचाल वाडटली, पर्यटनाक चालना मेळटली , आनी देशभरांतल्या अर्थीक येणावळीक आदार दितले. केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आनी मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हेय कार्यावळीक हाजीर आसतले. प्रधानमंत्री काल सांजवेळार आपल्या संसदीय मतदारसंघ वाराणसींत पावले. प्रधानमंत्री मोदी हांका शारांतले लोक आनी पक्ष कार्यकर्त्यांनी भव्य येवकार दिलो. बनारस खजुराहो वंदे भारत गाडी वाराणसी, प्रयागराज, चित्रकूट, खजुराहो ह्या प्रतिकात्मक धर्मीक आनी सांस्कृतीक सुवातींक जोडटली आनी हाका लागून प्रवाशांचे वेळ 2 वरां आनी 40 मिनटांय वाचतले. लखनौ-सहारनपूर वंदे भारत गाडी मध्य आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशा मदलो प्रवास सुगम आनी बेगीन करतली.फिरोजपूर दिल्ली ही ह्या मार्गाचेर सगळ्यांत वेगान

चलपी गाडी जाल्यार एर्नाकुलम बेंगळुरू वंदे भारत गाडी मुखेल आयटी आनी वेवसायीक केंद्रांक जोडटली.

Pm

आयज सांजवेळा नवी दिल्लींतल्या भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयांत कायदेशीर मजत दिवपाची यंत्रणा घटमूट करपाचे राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी करतले. राष्ट्रीय कायदेशीर सेवा प्राधिकरणान (नाल्सा) तयार केल्ल्या सामुदायिक मध्यस्थी प्रशिक्षण मॉड्यूलाची सुरवात प्रधानमंत्री करतले. तशेंच ह्या निमतान ते मेळाव्यांक मार्गदर्शन  करतले. दोन दिसांच्या परिशदेंत कायदेशीर मजत संरक्षण वकील प्रणाली, पॅनल वकील, पॅरा-लीगल स्वयंसेवक, कायम लोक अदालत आनी कायदेशीर सेवा संस्थांचें अर्थीक वेवस्थापन अशा कायदेशीर सेवा चौकटीच्या मुखेल आंगां विशीं चर्चा जातली.

Iffi

भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या 56व्या आवृत्तींत 81 देशांतले 240 वयर चित्रपट आसतले, तातूंत 13 संवसारीक प्रीमियर, 5 आंतरराष्ट्रीय प्रीमियर, आनी 44 आशियाई प्रीमियर आसतले. ब्राझीलीयन फिल्म निर्मातो गॅब्रिएल मास्कारो हाच्या साय-फाय फॅन्टासी फिचर *द ब्लू ट्रेल* च्या आदारान हो महोत्सव सुरू जातलो. जपान देशाक अंदुच्या iffi तल्या country in focus चो मान फावो जाला. स्पेन हो भागीदार देश आनी ऑस्ट्रेलियाक spotlight मान फावो जाला. ह्या महोत्सवांत बायल दिग्दर्शकांचे 50 वयर चित्रपट दाखयतले आनी वेब आनी ओटीटी सामुग्री खातीर नवे पुरस्कार सुरू करतले. भारतीय पॅनोरमा विभागांत 25 फिचर फिल्मां, 20 बिगर फीचर फिल्मां, आनी 5 पदार्पणाचीं फिचरां सादर करतले, राजकुमार पेरियासामी हांणी दिग्दर्शीत केल्ल्या *अमरन* (तमिळ) आनी नोन फीचर फिल्मां *काकोरी* हांणी सुरू करतले. महोत्सवाच्या उत्सवाचो एक भाग म्हूण सिनेमांतलीं 50 नामनेचीं वर्सां पुराय केल्ल्यान समारोप सुवाळ्यांत आख्यायिक अभिनेतो रजनीकांत हांचो भोवमान करतले. हो महोत्सव 20 ते 28 नोव्हेंबर 2025 मेरेन गोंयांत जातलो.19व्या आवृत्तींतल्या वेव्स फिल्म बाजारांत पटकथा लेखक लॅब, सह-निर्माण बाजारपेठ, आनी व्हयूइंग रूम लायब्ररी सयत जायत्या विभागांतल्यान 300 वयर फिल्म प्रकल्प येजमानकी

मेळटले. सह-निर्माण बाजारांत 22 फिचर फिल्म आनी 5 डॉक्युमेंटरी आसतले, जातूंत जिखपी प्रकल्पांक वट्ट 20,000 डॉलर रोख अनुदान दितले.

गोयात जावपी आगामी भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव - इफ्फी २०२५ निर्मात्यां खातीर जगाकडे एक पूल म्हण काम करतलो अशे.नवी दिल्लीत पत्रकार परिषदेत उलयताना माहिती आणि प्रसारण राज्यमंत्री डॉ. एल. मुरुगन हाणी म्हणले.चित्रपट महोत्सवात ८१ देशांतले २४० चित्रपट प्रदर्शित जातले,देखुन इफ्फी भारतीय चित्रपटांक एक जागतिक व्यासपीठ प्रदान करतले. इफ्फीत एआय आणि एआय-आधारित सामग्री खातीर समर्पित विभागासयत नवीन तंत्रज्ञानाचो समावेश करतले. या वर्षी बायलांनी दिग्दर्शित केले ५० परस चड चित्रपट प्रदर्शित करतले जाका लागुन सरकारच्या नारी शक्तीच्या दृष्टिकोनाक चालना मेळतली अशे ताणी सांगले byte .

हे वेलार भारताच्या फिल्मात वापरपि तंत्राण्यानावीशी फिल्म कलाकार, निर्माता आणि निर्देशक शेखर कपूर हाणी सांगले byte

भारतीय फिल्म जागतिक पावडयार महत्वाची आणि मुखार पावलयात हे विशी तानी सांगले byte

Buddha

नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय संग्रहालयांत दवरिल्ले भगवान बुध्दाचे पवित्र अवशेश आयज इकरा दिसांच्या भौशीक प्रदर्शना खातीर भूतानाक वचतले. समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री dr वीरेंद्र कुमार शिश्टमंडळाचें फुडारपण करतले. हें प्रदर्शन थिंफु हांगा जावपी जागतीक शांतताय प्रार्थना महोत्सवाचो एक भाग अशें संस्कृती मंत्रालयान सांगलें.

PRESIDENT

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान सुरू जावपी आंगोला आनी बोत्स्वानाचा दोन राश्ट्रांच्या भोंवडेर वतल्यो . तिच्या भेटीच्या पयल्या पांवड्यार राष्ट्रपती आपल्या समकक्ष जुआंव मॅन्युएल गोन्साल्व्हेस लॉरेन्सोच्या आमंत्रणा प्रमाण आंगोलाक भेट

दितली. भारत आनी आंगोला ह्या वर्सा राजनयिक संबंद स्थापन जाल्ल्याक 40 वर्सां पुराय करतात. ह्या भेटी वेळार राष्ट्राध्यक्ष मुर्मू फाल्यां राष्ट्राध्यक्ष लॉरेन्सो हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले. तिच्या भेटीच्या दुसऱ्या लेगाचेर राष्ट्राध्यक्ष मुर्मू 11 नोव्हेंबराक बोत्स्वानाक वचतली. बोत्स्वाना कडेन आशिल्ले बऱ्याच काळासावन आशिल्ले आनी इश्टागत करपी संबंद घटमूट करपाची देशाची वचनबद्धताय ही भेट स्पश्ट करता. हे भेटी वेळार राष्ट्राध्यक्ष बोत्स्वानाचो अध्यक्ष दुमा गिडियन बोकून हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले.

Imd

भारतीय  हवामान खात्यान फुडल्या दोन ते तीन दिसांत तमिळनाडू आनी केरळात एकसुऱ्या सुवातींनी  पावस पडपाचो अदमास उक्तायला